# ग्रामपंचायत वार्ड पोटवेंचणूक कार्यक्रम जाहिर

ता. 17 एप्रिल 2025

गोंय राज्य वेंचणूक आयोगान बार्देस म्हालांतल्या थिवी ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1, अस्नोडा ग्रामपंचायतीचो वार्ड-7 आनी मुरगांव म्हालांतल्या चिकली ग्रामपंचायतीचो वार्ड-1 खातीर पोटवेंचणूक जाहिर केल्या. वयल्या ग्रामपंचायत वार्डांच्या पोटवेंचणूके खातीर आयतार 11 मे 2025 दिसा मतदान जातले. मतमेजणी 12 मे दिसा जातली.

पोटवेंचणूके खातीर जिल्हा वेंचणूक अधिकारी, निर्वाचन अधिकारी आनी सहाय्यक निर्वाचन अधिकारी आनी निरिक्षकांची नेमणूक केल्या. प्रभागांतल्या मतदारांची वळेरी 8 एप्रिल 2025 दिसा प्रसिध्द केल्या. मतदान मतपत्रिके वरवीं जातले. सकाळी 8.00 ते सांजेची 5.00 मेरेन मतदानाची वेळ आसतली. उमेदवारांक खर्च मर्यादा 40 हजार रूपया आसा. आचारसंहिता 16 एप्रिल सावन लागू जाल्या.

उमेदवारी अर्ज आयतार सोडून 21 ते 28 एप्रिल मेरेन स्विकारतले. उमेदवारी अर्जांची छाननी 29 एप्रिल दिसा जातली. उमेदवारी अर्ज फाटी घेवपाची तारीख 30 एप्रिल आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/364

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.